आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

राष्ट्रीय खबरो

Date : 07/11/2025 6.30 PM

स्वातंत्र्य चळवळीक उर्बा दिवपी वंदे मातरम ह्या गीताचे सार्दशती उत्सवाक आयजसावन देशभरात सुरूवात जाली . बाकिम चंद्र चॅटर्जी हांणी १५० वर्सांपयली हें गीत बरयल्लें. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज नवी दिल्लींत ‘वंदे मातरम’ च्या सार्दशती सुवाळ्याचें उक्तावण केलें. ‘वंदे मातरम’ हो एक मंत्र, एक उर्जा, एक सपन आनी एक संकल्प आसा अशें ताणी सांगलें. (bytes sec)

ह्या निमतान ताणी एक यादस्तीक टपाल तिकीट आनी नाणें जारी केले. तशेंच ‘vandemataram150.in’ हें खाशेलें पोर्टल चालिक लायलें.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी भारत माताचे समृध्दी खातीर वावुरपाचो संकल्प सगल्या नागरिकांनी करचो अशे आवाहन केले. मजगती गोयचे मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी तरणाट्यांनी ‘वंदे मातरम’ ह्या देशभक्ती गीतांतल्यान प्रेरणा घेवची अशें आवाहन केलें .

30

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सांजें वाराणसी पावतले. उत्तर प्रदेशाचे राज्यपाल आनंदीबेन पटेल आनी मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ तांकां विमानतळार येवकार दितले. फाल्यां ते बनारस-खजुराहो आनी लखनौ-सहारनपूर सयत चार वंदे भारत एक्सप्रेस गाडयांक पांचवो बावटो दाखयतले.

80

सर्वोच्च न्यायालयान आयज भौशिक सुवाती आनी म्हामार्गांवयल्यान  रस्ताद सुणी आनी हेगडी गोरवां आनी हेर जनावरांक काडून उडोवपा खातीर मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्यात. पशु जल्म नियंत्रण नेम, 2023 खाला भौशिक सुवातावेल्यान जनावरांक नेमान काडून उडोवपाक वांगडाच गरजेची लस आनी निर्जंतुकीकरण केल्या उपरांत नियुक्त आश्रय केंद्रांत व्हरप ही थळाव्या संस्थांची जापसालदारकी आसा अशेंय न्यायालयान सांगलां. सर्वोच्च न्यायालयान सगळ्या राज्यांच्या आनी संघराज्यांच्या मुखेल सचीवांनी  ह्या आदेशांक खर पाळो दिवपाचो आदेश दिलो. तशेच आठ सप्तकां भितर स्थिती अहवाल आनी प्रतिज्ञापत्र दाखल करचें अशें सांगलां .

60

बिहार वेचणूकेच्या दुस-या पावंड्यावेलो प्रचार पावलो तेंगशेर. एनडीए आणि महाआघाडीचे वडील फुडारी आनी स्टार प्रचारक हेर पक्षांचे फुडाऱ्यां वांगडा मतदारांक आकर्षित करपाचो यत्न करतात. एनडीएच्या घोशणापत्राचेर बिहाराक विस्वास आसा आनी एनडीए बिहाराची उदरगत करतलो  अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी औरंगाबादांत जाल्ले भौशिक सभेत सांगलें. मजगती अमरपूरांत जाल्या भौशीक बसकेंत कॉंग्रेसीचे वडील फुडारी राहूल गांधी ही वेंचणूक बिहाराच्या फुडारा विशीं आसा अशें सांगलें.

गोंयांत जावपी इफ्फी म्हळ्यार आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव - निर्मात्यांक संवसारांवांगडा जोडपाचो दुवो म्हूण काम करतलो अशें म्हायती आनी प्रसारण राज्यमंत्री डॉ.एल.मुरुगान हांणी सांगलें. (bytes    डॉ एल मुरुगन 20 sec)
आयज नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदेंत उलयतना इफ्फी हो देशांतली चित्रपट विविधताय दाखोवपाचो यत्न आसा अशें म्हायती आनी प्रसारण सचीव संजय जाजू हांणी सांगलें.

30/

केंद्रीय कामगार आनी रोजगार मंत्री डॉ.मनसुख मांडविया हाणी  दोहात जाल्ल्या समाजीक उदरगती विशीच्या दुसऱ्या संवसारीक शिखर सभेंत भारताचें फुडारपण केले .शाश्वत सुदारणा आनी डिजिटल नवनिर्माणावरवीं भारतांच्या  परिवर्तनाचेर भर दिलो.

भारत समावेशक प्रसाराखातीर ई-श्रम आनी राष्ट्रीय करिअर सेवा पोर्टल सारकिल्या प्लॅटफॉर्मांचो वापर करता अशेंय तांणी सांगले. तशेंच रोजगार सहकार आनी सुरक्षीत स्थलांतराच्या प्रस्नांचेर वेवसायीक फुडाऱ्यां कडेन ताणी संवाद सादलो.

50

भारत मेट्रो जोडणी मळार संवसारीक पांवड्यार तिसर्या क्रमांकाचेर आसा अशें शारी वेव्हार मंत्री मनोहर लाल हांणी म्हणला . गुरुग्रामांत जाल्ल्या अठराव्या अर्बन मोबिलिटी इंडिया परिशदेंत ते  उलयताले. चालू आशिल्लो भूंयगत पायपलायन जोडणी प्रकल्प पुराय जाले उपरांत भारत अमेरिकेचर  मात करून संवसारांतलें दुसरें व्हडलें मेट्रो नेटवर्क जातलें अशें ताणी मुखार सांगलें.

हवामान 40

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या 48 वरांत मध्य भारतांत उण्यांत उणें तापमान दोन ते चार अंश सेल्सियस देंवपाचो अदमास उक्तायला.मजगतीं, दिल्ली-एनसीआर वाठारांतल्या हवेचो दर्जो सामकोच वायट श्रेणीत आसा.

स्पोर्ट्स 20

भारताच्या रथिका सुथंथिरा सीला हिने कॅरन ब्लूम हिका सरळ सेटात हारावून एनएसडब्ल्यू ओपन स्क्वास सर्तीच्या सेमीफायनलांत पावल घाला

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या.